आकाशवाणी पणजी

10/01/2026

राष्ट्रीय खबरो

6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तीन दिसांच्या भोंवडेर आयज सांजे गुजरात पावतले. ह्या वेळार ते सोमनाथ स्वाभिमान पर्व सयत वेगवेगळया कार्यावळींनी वांटो घेतलो. सोमनाथ देवळाचो चार दिसांचो सोमनाथ स्वाभिमान पर्व, आयतारा गिर सोमनाथ जिल्ह्यांतल्या दर्यादिगेवेल्या वेरावाल शारांत सुरू जालो.
१०२६ वर्सा गाझनीच्या महमूदान सोमनाथ देवळाचेर पयलेच खेपे केल्या हल्ल्याच्या घडणुकेक हजार वर्सां जालीं.

संवसारीक महाशक्त म्हणून देश उबो रावपा खातीर आत्मनिर्भरताय खूब म्हत्वाची आसा हचेर घरमंत्री अमित शाह हाणी भर दिला. आयज जोधपूरच्या मारवाड आंतरराष्ट्रीय केंद्रांत जाल्ल्या महेश्वरी समाजाच्या राष्ट्रीय अधिवेशनांत ते उलयताले . स्वदेशी उत्पादनांचो वापर केल्यार देश आत्मनिर्भर जातलो तशेंच आवयभाशेक चालना दिवपाचें म्हत्व तांणी उक्तायलें.

आतामेरेन परीक्षा पे चर्चा 2026 खातीर 4 कोटी वयर ऑनलायन सहभागनी नोंदणी केल्या. हो आंकडो फाटल्या वर्साच्या गिनीज वर्ल्ड रेकॉर्डक फाटी सारता . फाटल्या वर्सा 3 कोटी 50 लाखां वयर नोंदणी जल्ली. तरणाट्यां खातीर ताणमुक्त वातावरण तयार करपाचो हेतू आशिल्ली परीक्षा पे चर्चा ही देशातली चळवळ जाल्या अशें ताणी आयज सोशल मिडिया पोस्टवरवी सांगलें. तशेच हतुत सगल्या इसुकांनी सक्रीयपणान वांटो घेवपाचें आवाहन तांणी केलें.

देशाचो फुडार घडोवपाक देशांतल्या तरणाट्यांची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री मनसुख मांडवीय हांणी सांगलें. आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या विकसित भारत यंग लीडर्स डायलॉग २०२६' च्या ‘उक्तावण सुवाळयांत ते उलयताले .

ह्या संवादांतल्यान तरणाट्या फुडाऱ्यांक तंत्रगिन्यान, उद्देजकता, बऱ्या प्रशासन, टिकावूपण आनी समाजीक उदरगत मळार उपाययेवजणो करपाखातीर योगदान दिवपाक उर्बा मेळटा. काल सुरू जाल्ली तीन दिसांची कार्यावळ ह्या म्हयन्याच्या 12 तारखेक सोंपतली.
मजगती ह्या कार्यावळीत देशांतल्या तरणाट्यां वांगडा संवाद सादपाविशी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उमेद उक्तायली

एक बळिश्ट आनी समृध्द राष्ट्र उबारपाक देशांतल्या तरणाट्यांची म्हत्वाची भुमिका प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उजवाड घालो .उल्लेखनीय उमेदीन आनी अतुलनीय उर्जेतल्यान प्रेरीत जाल्ली देशाची तरणाटी पिळगी देशाची वाड आनी उदरगतीखातीर घटमूटपणान वावुरता अशें ताणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलें.१२ तारखेक ते ह्या संवाद 2026' च्या निमाण्या अधिवेशनांत वांटो घेतले. ह्या कार्यावळी वेळार प्रधानमंत्री आंतरराष्ट्रीय प्रतिनिधी सयत देशभरांतल्या तीन हजार तरणाट्यां कडेन संवाद सादतले.

संवसारीक पुस्तक मेळाव्याच्या 53 वी आवृत्तीचें आयज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपांत शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी उक्तावण केलें bytes

पुस्तकां ही पिळग्यांक जोडपी, संस्कृतायेच्यो यादो सांबाळपी आनी समाजाक मार्गदर्शन करपी गिन्यानाचे वाहक आसात अशें ताणी सांगलें. नवी दिल्ली संवसारीक पुस्तक मेळावो हो देशांतल्या वाचन संस्कृतायेचो सगळयांत व्हडलो भौशीक उत्सव आसा अशें तांणी मिखर सांगलें. णव दिसांच्या ह्या मेळाव्यात ३५ वयर देशांतले एक हजारां परस चड प्रकाशक वांटो घेतात

बायलांचे उदरगती परस बायलांच्या फुडारपणा खालाचे उदरगतीक सरकारान प्राधान्य दिलां अशें भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी केंद्रीय मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगलां. आयज कोयंबटूरांत राज्य भाजपाच्या प्रोफेशनल कनॅक्ट कार्यावळींत ते उलयतले .

आयज संवसारीक हिंदी दीस. शिक्षण, सांस्कृतीक आदान-प्रदान हांचो आस्पाव करून आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार हिंदी भाशेच्या वापराक चालना दिवपा खातीर दर वर्सा हो दीस मनयतात.
2006 वर्सा ह्याच दिसा नागपूरांत पयली संवसारीक हिंदी परिशद घडोवन हाडली.तेन्नासावन दर वर्सा 10 जानेवारी संवसारीक हिंदी दीस म्हणून मनयतात

भारतिय हवामान खात्यान आयज 'राजस्थान, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात दाट ते सामके दाट धुकें पडपाचो ऑरेंज' अलर्ट जारी केंला. तशेंच फुडल दोन दिस हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, मध्य प्रदेश, बिहार, अस्तंत बंगाल कर्नाटक आनी ईशान्यतल्या कांय वाठारांनी दाट धुकें पडपाचो अदमास आयएमडीन उक्तायला.

क्रिकेटांत फाल्यां गुजरातांतल्या वडोदराच्या बीसीए मैदानार भारत आनी न्यूझीलंड पगडामदी आड खेळटलो. हे मालिके खातीर फलंदाज विराट कोहली आनी रोहित शर्मा पंगडांत परतून आयल्यात.